Panaji Regional

17th May 2026

7.25am

महेश/सुभाष जाण - आयुर्वेदीक भलायकी शिबिर

आयुर्वेदासयत हेर भलायकी दोतोरा कडल्यान दिवचलच्या दीनदयाल हेल्थ केअर हॉस्पिटलांत आयुर्वेदीक भलायकी शिबिर सुरू आसा. 5 मे सावन सुरू जाल्लें हें शिबिर 5 जून मेरेन चलतले. मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल या केंद्राक भेट दिवन सेवांची पळोवणी केली. मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, ZP Padmakar Malik आनी हेर मानेस्त या वेळार हजर आशील्ले. दरेका नागरिकाक बरी भलायकी सुविधा दिवपा विशीं सरकार गंभीर आसा अशे ह्या वेळार उलयतना मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी सांगलें.

लोकांक फुकट तपासणी करपा खातीर केंद्राक भेट दिवची तशेच ह्या सेवेविशी चड म्हायती खातीर अधिकृत संकेतस्थळाक भेट दिवंची अशें मुखेलमंत्र्यांनी मांगलां.

महेश - आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीस 2026

आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीस 2026 16 ते 18 मे 2026 मेरेन, पणजेत गोंय विज्ञान केंद्रांत मनयतले. गोंय सरकाराच्या संग्रहालय संचालनालयाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत सांस्कृतीक आनी शास्त्रीय दायज सांबाळपाक संग्रहालयांचें म्हत्व उक्तें करपी विंगड विंगड कार्यावळीं jatlyo. अंदू आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीस "संग्रहालयांनी एक विभागिल्लो संवसार एकठांय हाडटात" ह्या

विशयांतल्यान मनयतात.  ह्या karyavlicho एक भाग म्हूण "माझें स्वताचें संग्रह" नांवाचें प्रदर्शन घडोवन हाडla. ह्या प्रदर्शनांत गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतले 25 हौशी संग्रहकर्ते आपले खाशेले संग्रह दाखयतले तातूंत नाणीं, टपाल तिकीटां, प्राचीन वस्तू,  कलाकृती, खेळणीं, दुर्मिळ पुस्तकां आनी हेर संग्रहित वस्तूंचो आस्पाव जाता.

kal सकाळीं या प्रदर्शnache उक्तावण जालें आनी ते 18 मे मेरेन दर दिसा सकाळीं 10 ते सांजे 5:30 मेरेन, पणजेच्या गोवा विज्ञान केंद्रांत he लोकां खातीर उक्ते आसतले. आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दिसाचो सुवाळो 18 मे दिसा जातलो. गोंयचे मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हूण समारोप सुवाळ्याक हाजीर रावतले.

महेश - पुरुमेत

गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन (GSRLM) आनी गोंय ग्रामीण उदरगत संचालनालयाच्या सहकार्यान तशेच गोंयकारांची गिरेस्तकाय हे संस्थेच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या ‘मडगांव पुरमेट फेस्त 2026’ चें उक्तावण भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांच्या हस्तुकी काल मडगांवच्या रविंद्र भवनांत जाले. हातूंत दक्षिण गोंयच्या वेगवेगळ्या गांवांतल्या बायलांनि आपलीं उत्पादनां विक्री खातीर दवरल्यात. हातूंत 50 परस चड स्टॉल उबारल्यात. ह्या महोत्सवाचें खाशेलपण म्हळ्यार अस्सल गोयच्या खाणां-जेवणाच्यो पदार्थ आनी वेगवेगळीं शर्बत, पेयां आसात. "गोंयच्या पारंपारीक दायजा आनी आधुनीक बाजारपेठे मदीं दुवो स्थापन करप" हो ह्या उत्सवाचो मुखेल हेत आसा. हाचे वरवीं पारंपारीक गिन्यान, थळावी कारागिरी आनी पाककलेची पद्दत फुडल्या पिळग्यां खातीर तिगून उरतली.

गणेश जावडेकर - लुकसान भरपाय

दिवचल तालुक्यांतल्या सुर्ला गांवांतल्या बाधित शेतकारांक, जमनीदारांक, रावपी लोकांक आनी कायदेशीर वारसदारांक लुकसाण भरपायेचे दावे सादर करपा खातीर खाशेलें सुविधा शिबिराचें आयोजन केला. गोंयच्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपिठांत दाखल केल्ल्या रिट याचिकेचेर दिल्ल्या आदेशा प्रमाण ही प्रक्रिया चालीक लायतात. हें शिबिर 20 ते 22 मे 2026 मजगतीं सकाळीं 10 ते सांजेच्या 5 वरां मेरेन सुर्ला गांवांतल्या सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालयात जातलें. उपजिल्होधिकारी आनी उपविभागीय दंडाधिकारी दिवचल हांची पात्र लाभार्थ्यांक लुकसाण भरपाय मंजूर करपाक आनी वांटपा खातीर कोर्ट कमिशनर म्हणून नेमणूक केल्या. ते प्रमाण मुख्यमंत्री तशेंच खण आनी भूविज्ञान मंत्री हांच्या निर्देशा प्रमाण दावे सादर करपाक आनी तपासपाक सोंपें जावचें म्हणून हें शिबिर आयोजीत केलां.

Weather=

गोंयांत 17 ते 19 मे ह्या काळांत जगलावणी, गडगडा सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. ते प्रमाण हवामान खात्यान गोंयंत आयज पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला. शेनवारा पणजे चडांत चड 34.6 अंश आनी उण्यांत उणें 32.8 अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाली. फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान 33 ते 34

जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 27 ते 28 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.